
काजुळे
प्रताप
नायक

7.1.1989

# काजुले

(कविता संग्रह)

प्रताप नायक

© प्रताप नायक
अेप्रील १९८३

◉

प्रकाशक :
मार्ग प्रकाशन
स्टिफन्स निवास
२००८, सैंट विनसेंट मार्ग
पुणे–४११ ००१

◉

छापपी :
एस. पी. प्रिन्टर्स,
येरवडा, पुणे ६.

◉

मुख चित्र :
मारियो फर्नांडीस
बाबू अुडुपी

◉

मोल : ५ रुपय

कोंकणी भास
म्हाका शिकयल्ले
म्हजे आवयक
म्हज्या बापायक
कवितेची स्फुर्ति
जिवाळ केल्ले
शांती बायेक
हें पुस्तक
भेटयलां हांवें.

## प्रताप नायकालीं हेर कोंकणी पुस्तकां

- रंगीत संगीत (धार्मीक गितां)
- बाळकांचें राज
  (पाळण्या गितां, कानडी लिपींत)
- जिवितांतलीं घडितां (कविता संग्रह)

# आमगेलो कवी

प्रताप नायक ह्यांचो जल्म १९५१ वरसा कर्नाटकांतल्या दक्षीण कन्नड जिल्लयाच्या कुंदापूर गांवांत जालो. कानडी माद्यमांत तांचें शाळेचें शिकप जालें. शाळेंत शिकतना कानडी भाशेंत तांचे लेख आनी कथा शाळेच्या मासिका-चेर अुजवाडाक येताल्यो.

गणीत आनी अंकगणितांत तांणी मैसूर विश्वविद्यालयाची B.Sc. सनद जोडतच जेजुचे सभेंत प्रवेश केलो. थंयसर तांच्या कोंकणी साहित्याक भरपूर अुत्तेजन लाभलें. तांचें कोंकणी साहित्य 'राखणो'; 'काणीक'; 'आमची माय'; 'अुदेव'; 'वावऱ्याड्यांचो अिश्ट' आनी अितर कोंकणी पत्रांचेर व्हाळत रावलें. अिंग-लीश भाशेंत सुद्दा ते बरे लेख आनी कविता बरयतात.

गोंयांत B.Ed. करतना तांचीं अुलोवपां आनी कविता वाचनां आकाशवाणी पणजीचेर प्रसार जालीं.

ताणीं कोंकणी लोक साहित्य खूब अेकटांय केल्लें आसा. त्या साहित्याचेर Ph. D. करपाक तांची फुडली आशा. ते कथा, नाटकां बरयतात, दिग्दर्शन करतात आनी स्वतः नाटकांत काम करतात तांचीं देणीं विवीध. तांच्या कवितांक लागून ते लोकामोगाळ जाल्यात. साद्या सोंप्या अुतरांच्यो, प्रासान, भावनांनीं गुंतल्लच्यो तांच्यो कविता वाचल्ल्यांक मात तांच्या चिंतपाची, विशाल नदरेची खबर आसा.

ताणीं पुण्यांतल्या ज्ञान-दीप विद्यापिठाची तत्वशास्त्राची सनद जोडल्या आनी आतां ते देवशास्त्राची सनद जोडपाक थंय शिकतात. वेगींच ते भाशाशास्त्रांत M.A. करतले.

काळखे राती काजुल्याचो अुजवाड बोव थोडो. पूण तो पळोवपाक रंगाळ आनी आकर्षक. **काजुले** ह्या कविता संग्रहांत प्रताप नायकाल्यो ल्हान व्हड विचारभरीत कविता आसात. त्यो काव्य रसिकांच्या काळजांनी भावनांचीं ल्हारां आनी मतिनी चिंतपाचीं तारां अुठयतेल्यो हांतूं दुबाव ना.

**प्रदीप प्रभू**
पुणे

# गुरुदिक्षा

लाभली आज गुरुदिक्षा
मोगाची ही भिक्षा
वा रागाची शिक्षा
करपाक म्हजी परिक्षा ?

दी म्हजेशीं लक्षा
दाखय फुडली कक्षा
लाभय तुजी पक्षा
कर म्हजी रक्षा.

करतां तुजी निरिक्षा
करूं नाका निर्लक्षा
दाखोंव नाका दुर्लक्षा
वा कसलीच अलक्षा.

# म्हजी विनंती

म्हज्या देवा
आयच्या दिसा
हीच म्हजी विनंती.

खंत दूख
सोसूंक म्हाका
सोसणिकायेचें तेल दी.

म्हजी निराशा
काडूंक म्हाका
आशेची वात दी.

म्हजी जिणी
त्यागान भरूंक
विशाल काळीज दी.

भूख हाडता
जेवणाक रूच
दूख दाखयता
सुखाचें रूप.

लग्ना आदीं
शंभर स्वप्नां
लग्ना अुप्रांत
हजार विघ्नां.

अेकसुरो आसप
अेकटो रावप
हांचे मधें
फरक कितलें
रात दिसाचें.

हातांत आसल्यार हिम्मत
मनशाक आसा किमत.

काळिजूच जर
जालें नित्राण
आंगांत त्राण
जिवांत प्राण
आसून तरी
फायदो कितें ?

पिकें पान झडलें
तरणे पान हासलें
तरणे पान झडलें
धरणिरसून म्हणालें
" आज म्हाका
फाल्यां तुमकां. "

पोटाक लागतच भूख
पेजेक आयली रूच
पोट भरतच
भूख थांबतच
पेज दिसली लज.

श्रेस्त म्हणता
"पयशे कितें करूं ?"
गरीब रडता
"पयशे खंयचे हाडूं ?"

गोटयांत आसा गाय
माटवांत बसल्या बाय
होकल म्हजी बाय
दुदा वयली साय.

सुकल्ले घाय
अुसय नाका
दुखल्लें काळीज
आजून दुखय नाका
कांटयान कांटो काडपाचें
काम तुंवें केलें
कांटो काडच्या बदला
कांटेच तुंवें तोपले.

बोंबील आसल्यार
आंबील पक्वान्न.

पाटलावदार क्रिस्ताचे
क्रिस्ता भाशेन चलते
आज आमकां
पावला पावलाक
क्रिस्तूच भेटते.

थोड्यांच्या जिवितांत
सुखच सूख
सुखच जालां
तांचें दूख
हेरांच्या जिवितांत
दुखच दूख
दुखच जालां
तांचें सूख.

तांत्याक फातरा लागीं झगडें कित्याक ?

नटी लागीं
लग्न जावपाची
आसत तुजी खुशी
पयलें पळय
गुणाचें वर्तन
लग्ना अुप्रांत
मोगाचें नर्तन.

आदीं भाटकारांचीं
भाटां पोटां वाडतालीं
आतां भाटां गेलीं
पोटां मात अुरलीं.

तुमी म्हणशात
"संवसारार वायट चडलां
कित्याक वायट करपी
जायते चडल्यात."
हांव म्हणतां
"बरे करपी अुणे पडल्यात."

आपल्या दोळ्यांत
दवरून मुसळ
पेल्याच्या दोळ्यांतलें
काडून किसर
अुगतें दाखयता
आपलेंच कुडुेपण.

जिवीत फुला परी
मोग त्या फुलांतल्या
म्होंवा बरी.

लग्नाचें जिवीत
दोंगरा सारखें
पयस सून सुंदर
चडूंक लागतच
पायांक तोंपतात
कांटे गुंडे
अर्धो चडतच
चडूंक अवघड
देंवूंक जड.

दुसमानकायेची कोडसाण
भरल्ल्या काळजाक
अिश्टमतेची गोडसाण
कशी कळत ?

पावसाळाच्या दिसा
भाटकार अेकलो
बालकावांत बसून
पोट पोशेतालो.
मुंडकार बाबडो
झोपडींत बैसून
सुकल्लया पोटाच्यो
मिरियो मेजतालो.

प्रेरणा दिवपाचीं तत्वां
जिवितांतलीं संपतच
जिवीत अर्थरहीत.

मोगान पिसो जाल्ल्याक मात
मोग कितें आटापता
हाची खबर आसता.

नितिचे तलवारीक
दोन धारी
सत आनी मत.

झाडाक सोबाय फुलांची
मनशाक सोबाय गुणांची.

सुण्यान चाबलें देखून
परत सुण्याक चाबप
मनशाक हें सोबत ?

काळजांत आसल्यार शांती
जिवांत भरता कांती.

म्हस पोसपी
आसूंक नजो
रेडचा परी
आसूंक फावो
म्हशी बरी.

काळजांत भरतच
विकाचो दाळो
अुतरां विकाळ
चिंतनां दिकाळ.

मनीस सर्वज्ञ जातो
देवाच्या जाग्यार
आपणाकूच बसयतो.

पुरुष आनी स्त्री
फकत दोनूच जाती
हांव मांडून घेवपी.

दर्यांतलीं ल्हारां चोयतना
ल्हारार धलपाची अपेक्षा
आकासाचीं तारां देखतना
तारार बसपाची आकांक्षा.

भावां भयणीं मधें
काळजाक तोपतच कांटे
जातात वेगीं वांटे.

दिसाचो नागडो भंवतेल्याक
रातीक काष्टी कित्याक?

गांड ल्हेंवतेल्याक
तोंड ल्हेंवपाक
लज कसली ?

कुडीक घटाय खाणाची
काळजाक घटाय मोगाची.

मेळतच सोने
जाय कोणाक
हलकें रुपें ?

मतीन अविचारी
कुडीन कामुकी
जातलो पिशाचो.

रागाक कान दोळे नांत
फकत तोंड हात आसात.

हजार दोत
मागपी
हठ करपी
लग्न जाता
कोणा लागीं ?
दोती लागीं
वा
चल्ये लागीं ?

जायत्यांक दिसता
आपल्या मरणान
संवसाराक जातलो नश्ट
तांच्या जिवितानूच
संवसारार वाडले कश्ट
हें तांकां कळतें
चड फायद्याक पडतें.

सुगुणी पळेता मन
दुर्गुणी पळेता धन.

सता निती पासत
आपलो जीव दिल्ल्या
मनशाची याद जातच
म्हजी मान बागवता.

गत ना निसाची
लज कित्याक पेजेची ?

तिरुपती, काशी
वचून न्हाशी
आंगाचो चिखल
काडून घेशी
तुजें पाप
काडूंक सकशी ?

आसल्यार गुणांची खोलाय
सोबता कुडिची सोबाय.

मात्येंत आसल्यार पाळां
रुकाक जातीत फळां

विदुषक लोकाक हासयता
तांकां खुशी करपाक
आपले बायलेक रडयता
आपलें रडणे थांबोवपाक.

अुलयल्ले भाशेन
आमी चलते
चलल्ले भाशेन
आमी अुलयते
संवसार आमचो
सर्ग जातो.

शीर पळेवन दाग दी
सांगणी ही आमच्या पुर्वजांची
शिरेचो राग धरिनासतां
शिरेक दाग दिवपी
खरोच शाणो दागपी.

आपलें साधन
पेल्याचो सहकार
देवाचो आधार
तेगांचो संगम
अुदरगतिचो अुगम.

वेता थंय
थोडयांक कुवाळे मेळतात
सोधूंक गेल्यारूय
थोडयांक आवाळे मेळनात.

जंय ओलसाण
थंय जित्रसाण.

काळजांत घटाय आसल्यार
जिवांत मोटाय कित्याक?

जर अुरत मोग
अुथळ पोकळ
तर अुबजत रोग
स्वार्थ कुस्कट.

चिंतपाचे झरीक
विचारांचें अुदक.

वयज आमचे
जीव राखपी
वा
जीव काडपी ?

आयचे पोलीस
नर रक्षक
वा
नर भक्षक ?

आपोंवक सोधताय वयज
खात्री कर गा दायज

काष्टी न्हेसपाक
गत नासल्ल्याक
नेवाळें कित्याक ?

जेवणात मीत
न्हेसणात रीत
जिवितांत नीत
आसल्यार मात
समाजांत मेळत
मान स्थान.

चिंतनां जातच पोजडीं
अुतरां जातीत नागडीं.

चिंतनां आसतीत निस्कळ
अुतरां जातीत नितळ.

मतींत आसतीत विचार विशाल
जिवींत जायत सदांच खुशाल.

दादल्यांक वोडणी बायलांची
बायलांक ताळणी भांगराची

न्हेसतच तांबडो साडो
बांधतच माथ्यार शेंडो
भंवूंक नाका वाडो ?

जिविताचे वाटेर
लाभल्यार प्रेरणा
आसल्यार धोरणा
सुगम प्रवास.

वरसां भरलीं साठ
संपत आयली वाट.

आयच्या दिसा
गरज आसा
सता खातीर झुजपी
निती पासत मरपी
म्हा पुरुषांची.

तापल्ली भूंय
पाउसा अुदकान
थंड जाता
पाचवी पालेता.
धीर दिवपी
अेकाच अुतरान
थकलें जिवीत
फुलून जिवाळता.

आमचे भंवती
स्वार्थी वणती
आमी अुभारतांव
मयामोगाचे पूल
कित्याक बांधिनांव ?

चंचल मन घोडयाक
अचल विचारूच लगाम.

पोट शिकयता चाकरी
चाकरी दिता भाकरी.

काम हाडता घाम.

केली लांबाय आयली जांबाय
केली आळसाय चुकली ससाय.

स्वार्थाचो लागलो रोग
काळजांतलो गेलो मोग.

भाताची जात शीत दाखयता
मनशाची किंमत सुगुणानी कळता.

कोगळिचो कू ....कू .... आवाज
म्हज्या कानार पडतच
काळजा घोंटेरांतली कोगूळ
रोकडीच जागी जाता
गीत गावन म्हणता
"दीस नवो उदेलो
हाडून प्रकास आपलो."

कवी म्हणता
" जिवीत आमचें कवीत."
म्हाका दिसता :
जिवीत हें आमचें
सुखान दुखान मिसळून रंगीत
आशेन निराशेन अुदेललें संगीत.

आंग अुदकान नितळ
मन सतान निर्मळ.

आंग धांपूंक ना चोळी
खांवक आशेता गोडा पोळी.

धा अुतरांनी सांगपाचें
अेकाच उतरान सांगपी
खरोच बरो बरोवपी.

कमळ चिखलांत जल्मता
पूण अुदकार फुलता.

गुणेस्त गुणानी रुपेस्त
आपले चालीन कुरपेस्त.

सताचो सत्व पियेतच
आपल्या तत्वां पासत
जीव दिवपाक ताकत
सतत लाभता.

मोगाचे मडकेंत
सेवा दया
त्याग निस्वार्थ
शीत शिजता.

थकल्ले कुडीक विश्रांती
दुखल्ले मतीक शांती.

कूड खाणान वाडता
गिन्यान साधनान चडता.

करताय काळीज घट
दवर मन नीट.

त्याग जातच पातळ
मोग पडता अुथळ

जंय आशा वाडता
थंय निराशा चडता.

जिवितांतलो हर अेक दीस
किते तरूय नवें हाडता
वा आदलेच परणे विषय
नवे नदरेन पळोवपाक शिकयता.

कुडिची तान
अुदकान थांबता
गिन्यानाची तान
वाचपान शिकपान
चिंतपान भागता.

# तुज्या येण्यान

मेल्लें जिवीत म्हजें
तुज्या येण्यान
जिवाळूंक लागलें.

दुखेस्त काळीज म्हजें
तुज्या अुल्यान
सुखेस्त पावलें.

बावल्लें वदन म्हजें
तुज्या हास्यान
फुलून परमळ्ळे.

चंचल मन म्हजें
तुज्या सहवासान
अचल अुरलें.

निराशी चितप म्हजें
तुज्या अुतरान
आशावादी जालें.

अस्थीर पावल म्हजें
तुज्या आधारान
स्थीर राबलें.

रितें घर म्हजें
तुज्या आगमनान
पुरतें भरलें.

वरसांचें अेकसुरपण म्हजें
तुज्या स्पर्शान
पळून गेलें.

थांबल्लें कवन म्हजें
तुज्या आवाजान
फुडे चल्लें.

अर्दें-मुर्दें गीत म्हजें
तुज्या संगितान
पुरतें गायलें.

आजून कितें उरल्लें
तुज्या येण्यान
सर्व लाभलें.

## दोन काळजां

जर दोन काळजां
दोन जावून अुरतीत
दोन मनां केदनाच
अेक ना जातीत
तर वेंग मारून
वोंटाक वोंट लावून
कुडिचो संबंध जोडप
मोग म्हणू येत ?
संभोगाची ती क्रिया
फकत कामाग्नी थांबोवपाची
अेक लैंगीक क्रिडा.

# जैत कोणाचें

फाटलीं घडितां
मतींत आठयतना
काळीज फुमारता.

संपल्ल्या यादिची
याद काडतना
जीव म्हजो
सगळो चिवळता.

मकरंद पियेवन
पिसोळ्यान सांडल्ल्या
फुला परी
अुसाचो रस चिवून
भायर अुडयल्ल्या
चिवणा बरी
म्हजी ही
परणी काणी.

तुका दिल्ल्या मोगाचो
तुका केल्ल्या अुपकाराचो
रुपकार हो.

याद दवर
फुलल्लें फूल
कितले दीस अुरत ?
पिकल्लें फळ
सदांकाळ रावत ?

तुंवें विंचल्लें
फूल बावतना
फळ कुसतना
तुजीच तुका
लज दिसतना
शंभर वांटचानी
जैत कोणाचें
तेन्ना जातलें ?

## संगीतकार

सा, रे, ग, म
दो, रे, मी, फा
तो अेक संगीतकार.

वोंटार ताच्या संगीत
जिबेर ताचे संगीत
व्हाळता संगीत
ताच्या शिरांनी
वाजता संगीत
ताच्या अुतरांनी
चलता संगीत
ताच्या पावलांनी
गाजता संगीत
ताच्या अुल्यांनी.

मधूर संगीत
ताच्या हास्यांत
दुखेस्त संगीत
ताच्या रडण्यात.

अुतरां ताचीं संगीत
पत्रां ताचीं रंगीत
संगीत ताचें सोबीत
संगीत ताचें मोहीत
दीस रात संगीत
जिवीत ताचें फकत
संगीत संगीत संगीत.

# चेडी

पोटाची भूक थांबोंवक
अेक मूठ शीत मेळूंक
आंगाची लज धांपूंक
अेक कुडको लुगट हाडूंक
मन नासून, लज सांडून
दुसरी वाट नासतां
ह्या धंद्यांत पडलां.

म्हजो घोव जिवंत आसतो
शिकप वाचप आसतें
शेतां भाटां आसतीं
कोणायची मजत मेळती
ह्या धंद्यांत हांव
कित्याक पडतीं ?
हाचेर तुमी विचार
केदनाच केलो ना
करपाचें साधन मन
दाखयलें ना.

बदलाक
तुमी म्हाका
नांव दिलें
" लज नासल्ली
चेडी ती "
तुमी दादले
म्हजे नदरेन
खरेच हिजडे
म्हज्या अबलपणाचो
फायदो काडपी
तुमी लजमाडे.

लग्नाच्या जिवीतांतली निराशा
कुडिची लैंगीक आशा
पूर्ण करपाक
म्हजे लागीं आयले.

तुमच्या हातांनी
हांव जालीं
खेळाची बाहुली.

तुमच्या पयशांची
हांव गुलाम
म्हजे कुडिचे
तुमी गुलाम.

गुलामपणाचो हो खेळ
कितले दीस
चलत रावत ?
तुमची कामुकता
थांबता पर्यंत
हांव तुमकां
जाय मेरेन
अुप्रांत कितें ?
तुमी जियेशात
पयशांच्या बळार
हांव मरन
भुकेच्या जाळान.

# कितले दीस ?

पिकल्लें फळ
पुलल्लें फूल
कितले दीस अुरत ?

कुडिची सोबाय
आंगांतली घटाय
सदांकाळ रावत ?

पयशांची दौलत
व्हडपणाची सौलत
खंय मेरेन चलत ?

बांधून दिल्ली भुती
पेटयल्ल्यो वाती
निरंतर पावतीत ?

लग्नाची बायल
तापलेली कायल
हुनूच अुरतीत ?

धनाचो मान
वंशाचें स्थान
सदांच लाभत ?

# आज

आज अुग्तीं जालीं
दारां म्हज्या काळजाचीं
बंधनां म्हजे मतिचीं.

काळजांतलीं झर फुटली
व्हाळूंक ती लागली
कुडिच्या सर्व विश्वांनी·

झरींत हांव अुडलों
झरिच्या अुदकांत न्हालों
झरी वांगडा व्हाळ्ळों.

संतोसान हांव नाचलों
संतोसान हांव रडलों
झरींत मिसळून गेलों·

# धनिया म्हज्या देवा

धनिया म्हज्या देवा
आयक म्हज्या राया
विनंती तुज्या दासाची
अनाथ गरीब सेवकाची.

काड म्हजो रोग
दिवन तुजो भोग.

व्हर काळजांतलो राग
पेटोवन समाधानेची आग.

धांवडाय म्हजें दूख
हाडून तुजें सूख.

पयस कर अशांती
पाठोवन तुजी शांती.

अुगती कर मत
दाखोवन म्हका सत.

वांचय म्हजो प्राण
रिगोवन अमर त्राण.

थांबय म्हजी भूक
जावन जिविताचो रूक.

थांबय काळयाची तान
अुघडून ताचे कान.

काडून स्वार्थी अंधकार
फांकय दैवीक प्रकास.

निवार पोटाचे त्रास
लाभोवन दिस्पटो ग्रास.

# चिंतपाच्या दोंगरार

चिंतपाच्या दोंगरार
अदृश्य कुपां
भोगणाच्यां सागरांत
अव्यक्त ल्हारां.

तीं कुपां
हीं ल्हारां
चुंबन दितात
म्हज्या जिविताक.

तेदना अुबजता
अमर गीत
मधूर संगीत
व्हाळत रावता
म्हज्या रगतांत
म्हज्या स्वशांत.

# तुजे सामकार

तुजे सामकार
आसां अुभो
अुडोवन मुखवड
रावलां नागडो
हांव किडो
अेक रेंटो
घाणेऱ्या शेणांतलो
स्वार्थान भरल्लो
खोटेपणांत बुडल्लो
तरूय तूं
रचणार म्हजो
तुवें सांडल्यार
नाकारून विसरल्यार
कोण दीत
म्हाका धीर
बळ आधार ?

# तुजी मौनता

तुजी मौनता :
काळीज फुटयता

तुजी नदर :
काळीज शिंदता

तुजी चाल :
म्हाका तांडता

तुजी सोबाय :
पिशी करता

तुजी ऊब :
जिवसाण हाडता

तुजी खाडकी :
पोटभर हासयता

तुजी साडी :
दोळ्यांत भरता.

# जालों हांव

जाल्या म्हजी मत
प्रकास नासल्ली वात
जळता सगळी रात
काडून फाटली याद.

खारसाण नासल्लें मीठ
कसो जालो हांव ?
रूच नासल्लें पीट
कित्याक जालो हांव ?

# वारणाशी

वारणाशी, वारणाशी
शिवाची तूं काशी.

तुज्या रसत्यांनी
म्हेळकट गल्ल्यांनी
भरल्यात कितले
भिकारी म्हातारे
थोंटे, भेरे
कुड्डे, मोने
कोडकार, पिडेगार
कावी न्हेसपी संन्यासी
व्यार करपी व्यापारी
रिक्षावाले, टोंगावाले
हांकां सर्वांक
अेकटांय करताय
वेंगेंत धरताय
तुजे पासळेंत.

जालीय तूं
आवय तांची
आसरो दिवपी
राखण करपी
कुलदेवी.

कसली तुजी माया
कितली तुजी दया
तुज्या भुरग्यांचेर.

आदीं पासुनी
भक्तांनी मानल्ली
तूं पुण्यभुमी.
आज मात
तुज्या गर्भांत
फकत चलता
भ्रष्टाचार, अत्याचार
हिंसाचार, भंडाचार.

कित्याक माते
रावल्याय तूं
धांपून तुजे
कान दोळे
अुघड भक्तांचे
कुड्डे दोळे
अुसय तांचे
कान भेरे.
सांग तांकां :

"भुरग्यांक म्हज्या दिवन अिजा
कित्याक करतात म्हजी पुजा ?
सांडा तुमचें अशीर चिंतप
हाडा बांधूंन मोगा मंटप
लासा तुमच्यो जाती काती
करात जिवीत सेवेची आरती."

# नेपालची नारी

आज परत भेटली नारी
अुभी आसल्ली रसत्याचे देगेरी
गांव तिचो गोदावरी
नांव तिचें सुंदरी
हांसो तिच्या वोंटारी
तांबसो रंग गालारी
तिच्या गांवांत म्हजे बिडार
म्हज्या काळजांत तिचें बिराड
हांव भारती, ती नेपाली
आमची वळख अेकूच महिन्याची
हांव चलो, ती चली
काळजांत जळता मोगाची दिवली
जाली ती म्हजी देवी
हांव जालों तिचो पुजारी
तिचे सोबायेक फुल्लों
वा गुणांक भुल्लों
म्हज्यान सांगूंक नजो.
भुरग्यापणार खेळाची कुस्ती
तरणाटपणार मोगाची मस्ती
म्हातारपणार भितरली वस्ती.

# कामगारांचें जिवीत

कामगारांचें जिवीत
नदर मारल्यार
कितलें विचित्र.

शेतकार :
शेतांत करता चाकरी
पिकता तें विकता
हाडूंक आपली भाकरी.

सुतार :
लोकाक न्हिदयता खाटीर
आपूण न्हिदता धरणीर.

गंवडी :
दुसऱ्यांक सिमेंटिचीं
घरा बांधपी
आपूण सदां
झोपडींत रावपी.

खारवी :
दुसऱ्यांक विकता
ताजे बांगडे
आपणाक घेता
झेलाचे तारले.

सोनार :

गांवच्या बायलांचे
गळे, हात, कान
भांगरान सजयता
आपले बायलेचे
हात मात
काचिच्या कांकणांनी
नेटयता.

रेंदेर :

गांवकाऱ्यांक पिवयता
माडाची फेणी
आपूण पियेता
बांयची पाणी.

धोबी :

लोकाचें वस्तूर धुवपी
आपले वस्तूर
बायलेक धुंवक लावपी.

लोहार :

करता हजार
प्रकार हांडचो
आपल्या घरांत
मात वापरता
मात्येच्यो मडक्यो.

चामार :
करून दिता
व्हाणो मोचे
ताच्या भुरग्यांचे
पाय रिकामे.

भाजीवालो :
दुसऱ्यांक खावयता टोमाटे
आपूण खाता बटाटे.

## समाधी

मरण पावल्या
मनशांची जावपाक
तुमकां यादी
बांधल्यो तुमी
ह्यो समाधी.

हातांत ताकत
जिवांत सकत
तुमच्या आसती
लोकाच्या घामाची
पयशांची निधी
विभाड करून
बांधतेनांत तुमी
ह्यो समाधी.

ह्या फुडे बांधपाच्यो
असत तर
बांधा तुमी
तुमच्योच समाधी.

## वाट राखतां

जिवितांत रिगल्ली
थंडाय आळसाय
तांडून काडून
हुनसाण हाडपी
मनशाची हांव
वाट राखतां.

काळजांत रोंबली
तिकसाण कोडसाण
चिंवून काढून
गोडसाण भरपी
नारिची हांव
वाट राखतां.

# सत लिपोवन

सत लिपोवन
अनित चलोवन
लोकाक फसोवन
हेरांक नागोवन
पयशे कमावन
देवळांत वचून
चार अगरबत्ती
मेणा वाती
जळोवन
हात जोडून
भक्ती भावान
नमस्कार करतेल्याक
मनिसूच न्हय
देवूय खूब
कांठळता आसत.

# परमेश्वराचें मंदीर

तूंच परमेश्वराचे मंदीर
त्या मंदिरात
तुझी सादी जिणी
फुलांची आरती

तुजीं मोगाळ अुतरां
भक्ताचीं प्रेमाळ भजना.

तुजीं दयाळ चिंतना
तेलाची दिवटी.

तुजी निस्वार्थी करणी
मंदिराची घंटी.

तुजी त्यागमय सेवा
मंदिराचो पुजारी.

# निशब्दता

निशब्दतेचे खोलायेंत
फाटलें जिवीत
चित्रपटा भाशेन
म्हजे मुखल्यान
पाशार जाता
आनी त्या
मौन वातावरणांत
कांदो सोलल्ले भाशेन
म्हजे काळ ज
अुग्तें जाता
तेन्ना
अुतरां मंत्रा नाकात
चित्रां सुत्रां नाकात
नाकात गितां गायनां
नाकात कसलींच भजनां
फकत मौन जाता
म्हजे पार्थन.

# जिवितांत

जिवितांत रिगल्या निराशेची रात
पेटय तांतूं भरवाशेची वात.

काळीज जालां गर्वान थोंटें
कर तें खालतें आगटें.

चितप जालां स्वार्थान सुराती
अुसय तें जावपाक अुदारी.

भोगणां जाल्यांत मोसरान कोडशीं
बदल तीं मोवाळ गोडशीं.

मत जाल्या आळशायेन दाट
हुशार करपाक दाखय वाट.

म्हज्या अुतरांनी म्हजीच बडाय
काडून अुडोवपाक सांग अुपाय.

# म्हजें किर्तन

रचलें हांवें किर्तन
गावपाक तुजें भजन.

काळजांतलीं अुतरां विंचून
मधूर सूर रचून
मंजूळ ताळो करून
सुरवात केली किर्तनाक.

घेवन म्हजें विणे
आशेवन तुजें येणें
मागून सुराचें देणें
गीत चडलें सर्गा तेणे.

आवाजान देह-मंदीर गाजलें
नादान शरीर म्हजे फुल्लें
भावनान काळीज खरेंच अुमाळ्ळें
जिवितूच म्हजें किर्तन जालें.

## साळक

साळका, तळ्यांतल्या फुला
पाळां तुजीं चिकलांत
फुलां तुजीं अुदकार.

तळे तुजें घराणे
चिकल खाण तुजें
पियेताय अुदक घाणेरें.

रंगाळ तुजीं फुलां
तांडतात पिसोळ्यांची तोंडा
आकर्षितात आमचीं मनां.

शिकयताय तूं नितळाय
सूचयताय तूं मोवाळाय
दाखयताय तूं नाजूकाय.

# अरे देवा

अरे देवा
तुजे सामकार अुभो रावलां
घेवन म्हजे हात रिते
तुका हांव दींव कितें ?

जातों हांव सोनार
घालतों भांगराचो हार.

जातों हांव सुतार
करतों मंदिराचें दार.

जातों हांव चित्रकार
काडतों तुजी तस्वीर.

जातों हांव गावपी
गायतों भजनां मंदिरांती.

जातों हांव माळी
अर्पितों फुलांची दाली.

जातों हांव तेली
जळयतों तेलाची दिवली.

जातों हांव रांदपी
हाडतों भोजनांची वाटली.

जातों हांव व्यापारी
पाठयतों कांय तरी.

जातों हांव खारवी
धरतों तुका कुर्ली.

जातों हांव शिल्पी
तयार करतों मुर्ति.

जातों हांव शिवपी
शिवतों तुका टोपी.

जातों हांव नाचपी
नाचतों नाच कुणबी.

जातों हांव अिजनेर
बांधतों तुजें मंदीर.

जातों हांव भाटकार
भेटयतों नार्ल आडसर.

देवा रे देवा
हांव गा सायबा
सान भुरगो
सात वरसांचो
तुका कितें दींव ?
आओीन म्हजे लाडू केल्यात
तांतले दोन चारून हाडल्यात
अक तुका, अेक म्हाका
दुसरें कांय विचारूं नाका.

# पुनवे राती

पुनवे राती
दर्या वेळेर
धवे रेंवेर
चांदणे पडलां
हांव थंय
रेंवेर न्हिदलां
चांदण्यात न्हालां.

भांगराळ चांदणे
खावन पियेवन
तान भूक
विसरून गेलों.

दर्याची गाज
कानांत गाजता
नखेत्रांची रास
दोळयांत भरता.

पुनवे रातीन
म्हजें काळीज
चोरून व्हेलां
कितलो म्हाका
पिसो केला
देवूच जाणा

# कोंकणी माते

कोंकणी माते, कोंकणी माते
अुघड माये दोळे तुजे
नदर मारून भुरग्यांक पळे

जल्म दिल्ले आवयक भायर अुडोवन
फिरंगी चेडियेक, परकच्यांचे आवयक
अिंगलीश मदामेक घरांत बसोवन
म्हणूंक लागल्यांत तुजीं भुरगीं
ह च आमची आवय
तिची आमकां ससाय
देखून करतांव तिचीच आपुरबाय.

तुज्याच पुता धुवांनी
सुटोवन तुजी साडी
केल्या तुका नागडी
आतां हांव पुसूं कशीं
दुखां हीं तुजीं
सांग माये, आवय म्हजे.

# कितलीं विचीत्र

कितलीं विचीत्र
आनी सचित्र
तुजीं कृत्यां
म्हज्या रचणारा !

दिसाक रवी, रातीक शशी
दोंगरार झरी, दर्यांत मौरी.

शेतांतलीं फुलां, दोंगराचीं रानां
रुकार फळां, मात्येंत पाळां.

मळबार तारां, दर्यांत ल्हारां
आंब्याक तोरां, घरांत पोरां.

शितळ वारें, गोटयांतलें सारें
कोंब्याक शेंकरें, गाढव भेंकरें.

पिसोळयाक सोबाय, कुवाळयाक मोटाय
पडवळयाक लांबाय, मनशाक जांबाय.

अूंच शिखर, खोल सागर
मोराचें आंग, पाकांचो रंग.

वाऱ्यार सुकणीं, धरणीर प्राणी
नार्लाची पाणी, मनशाची वाणी.

आकासार कुपां, तांचीं रुपां
काळीं जांबळां, धवीं जांबां.

स्तुती करतात सदांकाळ तुजी.

## ..... आंवाज

आवाज नासल्लो आवाज
कानांत म्हज्या गाजता
पावलां नासल्लो नाच
आगांत म्हज्या नाचता.

दुखां नासल्लीं दुखां
दोळ्यांनी म्हज्या गळतात
अुतरां नासल्लीं सुत्रां
जिभेर म्हजे घोळतात.

आकार नासल्लीं रुपां
दोळ्या मुखार अुदेतात
भोगणां नासल्लीं कुपां
काळजांत म्हज्या अुठतात.

# जिवीत तांचें अशें

सकाळ आयली
सांज जाली
दिश्ट आपली
मळबाक लावन
पाउसाची वाट
राखून राखून
गरीब शेतकऱ्याची
गोमटी वळ्ळी.

दर्या देगेर
रेंवेर चलून
उदकांत रावून
जाळ घेवन
मासळेची
वाट पळेवन
खारव्याचे पाय मुयेले
हात वळून आयले.

मद्यान रात जाली
पाखरां सुकणीं
मनीस मोनजाती
घोरेंवक लागलीं
बेबद्या घोवाची
वाट चोवन
बायल बाबडी
जेमेंवक लागली.

# हिमालयाच्या गोपांत

हिमालयाच्या गोपांत
नेपाल देशांत
खरोच जालों
हांव पिसो
चोयतच सोबाय
चाखतच थंडाय
अूंच पर्वताची
पर्वतांच्या रुकांची
रुकांच्या फळांची
रानवटी फुलांची
न्हंयच्या अुदकाची
गगनाच्या कुपांची
रंगाळ पिसोळ्यांची
मोवाळ सुकण्यांची.

देवा म्हज्या
कितलो सुरूप
रचलो तुवें
हो संवसार
फकत मनीस
स्वार्थाक लागून
करूंक सकता
तो कुरूप.

# फूल चौकी

नेपाल देशाची
गोदावरी गांवांतली
फूल चौकी
९००० फूट
अुंचाय तुजी
अुतरां वरती
सोबाय तुजी.

तुजे तकलेर चडपाक
लागतात तीन तास
वयर पावतच हांव
विसरतां सगळे त्रास.

तुजे तकलेर बसल्यार
दिसता म्हाका
हिमान भरल्ल्या
हिमांची रास.
नाकांत म्हज्या रिगता
तुज्या फुलांचो वास.

तुजेर चडतच
विसरतां हांव
पोटाची भूक
आंगाची दूख
फकत नियाळतां
म्हजें सूख.

फूल चौकी
भाग तूं
गोदावरी लोकाचें
देणे तूं देवाचें.

# नेपाल

नेपाल देशा
शेरपांच्या कुळेरा
थंडायेच्या मायेरा
प्रवासिकांच्या घरा
हिमालयाच्या सागरा
सुकण्यांच्या शहरा
फुलांच्या नगरा
चेंडियांच्या आसऱ्या
कलाकारांच्या दातरा
तुका म्हजो प्रणाम
तुका मोगाचो सलाम.

# आज

आज म्हज्या
काळजा दर्यांत
संतोसाचें ल्हार अुठलें
अुतरां वरतें
त्या ल्हारार
जीव म्हजो
कितलें म्हजेंन
हाल्लो धल्लो.
जिवीत म्हजें
कितलें चिवाळ्ळें
ल्हाराच्या स्पर्शान
तितलेंच जिवाळ्ळें.

सांडून पाटलें
यादिच्या समदिरांत
दवरून मुखलें
रचणाराच्या आवरांत
मारतां हांव पावलां
अमर जिविताचे वाटेर.

# चामार

आमी चामार
तुमचे नदरेन
दळदीर सुदीर.

तुमच्या पायांक
व्हाणो मोचे
करतां करतां
जिवीत आमचें
संपत आयलें
आमच्या भुरग्यांचे
पाय मात
रितेच उरले.

आमचे मोचे
तुमकां मांदले
आमकां मात
तुमी नाकारले.

आमी मनीस
तुमच्या सारख्याचे
रगता मासाचे
हाडा कातिचे
तरूय आसतां
कित्याक नां
आमकां मान
वा स्थान ?

# तुजीं नांवां

जेजू क्रिस्ता,
भक्तांनी तुका दिल्यांत
हजार प्रकारांचीं नांवां.
" तूं म्हजें खडप "
" तूं म्हजो मंटप "
" तूं जिविताचें उदक "
" तूं म्हजो तारक "
" तूं जिविताचो रूक "
" तूं देवाचो पूत "
" तूं म्हजो आसरो "
" तूं म्हजो किल्लो "
" तूं म्हजो स्वामी "
" तूं म्हजो गवळी "
खंयच्या नांवान तुका
हांव आपोंव क्रिस्ता ?
तूं म्हजो उस्वास
ह्या नांवाचो सुवास
म्हाका तुजेशीं तांडता.

# अेवरेस्ट

अेवरेस्ट शिखरा
हिमालयाच्या कुवरा
शेरपांनी दिलां
नांव तुका
" सागर माता ".

तूं गौरव
तूं वैभव
तूं मान
नेपाल देशाचो.

तुजें दर्शन
घेवपाचे आशेन
व्हडे खुशेन
हांव आयल्लों
पूण तूं
कित्याक लिपलो
हिमाच्या कुपांत ?

तुका देखपाची
आशा म्हजो
पुरती थांबली
देखतच तुजीं
रंगाळ चित्रां.

# हांव

" हांव " म्हणजे कोण ?
हांव कित्याक म्हणतां
म्हजें पोट फुगलां
म्हजें नाक सुजलां
म्हजो पाय दुखता
म्हजो हात वळता.

' हांव ' न्हय पाय
न्हय पोट पाट
वा हात कान
तर ' हांव ' कोण ?
" हांव "
म्हज्या म्हजेपणाचें मनशापणाचें
मूळ तत्व आनी सत्व.

# नेणटी भुरगीं

पिसोळ्यांनी फुलारसून
फुलार अुडप
म्होंव पियेवप
फुलांक सांडप
भुरग्यांनी पिसोळ्यां
पाटल्यान धांवप
पिसोळ्यांक धरप
तांचे पाय मोडप
तांचे पाकाटे काडप
तांकां मारप
हें देखतना
हांव अुद्‌गारतां
"हीं भुरगीं
खरींच नेणटी ?"

# आपलो पेलो

पेल्याक अुतरांचो धीर
दिवपी मेळतीत जायते
पेल्याक पयशांचो आधार
करपी दिसतीत थोडे
पेल्या पासत जीव
दिवपी लाभतीत थोडे
आपलो पेलो
आपणा अितलोच वरतो
मानपी आसतीत कितले ?

## आयच्या संवसारांत

आयच्या संवसारांत
सत नीत
त्याग मोग
आसा वा नां
हाचो म्हाका
दुभाव मारता.

संवसारार घडता
तें देखतना
आयकतना
केदना म्हाका
अशें भोगता
कुड्डो भंरो
मोनो जाल्लों
कितलो बरो
पूण

हें साद्य ना
ही वाट
पोळकुन्याची.
भिवकुन्याची.

–९३–

झुजूंक आसा
झरूंक आसा
झुजन झरून
मरूंक आसा
हेंच जिवीत
हेंच जैत.

# चलो-चली

चलो आनी चली
दोगांय देवाचीं देणीं
दोगांय देवाचीं रुपणीं
तर कित्याक आमी
चलो जाल्यार फुगतांव
चली जाल्यार सुकतांव ?

# कावळो

काळो काळो
हांव कावळो
का का करतच
बाबुल्या आयलो
तुजो मावळो.

मावळो आयलो
फायदो कसलो
आयलो तो
घेवन आपलो
पांटलो रिकामो.

लागीं वचून
मामाच्या किशांत
चोय रे बाबू
तांतूं भरल्यात
तिळा लाडू.

## प्रार्थना

आयक देवा प्रार्थना म्हजी
स्विकार करून फुलां आरती.

आयक भक्ता अुतरां म्हजीं
कोणाक जाय फुलां आरती
कित्याक जळयताय मेणा वाती
बेस्टच्योच पेटयताय अगरबत्ती ?

चुकलों राया कर दया
भोगशी आतां दासाक तुज्या.

अुल्याक म्हज्या कान दी पोरा
देवाळांत करून म्हजी पुजा
भायर वेतच दिताय चोरा
प्रजेक म्हजे कित्याक अिजा ?

अुतरां तुजीं कठीण धनिया
सुत्रां तुजीं कडक स्वामिया.

रावय तुजीं पोकोळ भक्तिपणां
काडून अुडय कुड्डीं फितिस्पणां
थांबय तुजीं स्वार्थी कुस्केपणां
सोडून दी तुजीं पोकरिपणां

तर देवा करूं कितें
सांग तूंच म्हाका पुरतें

जिवीत तुजें करून पणती
तांतूं घालून तेल निस्वार्थी
जळोवन वात नीज मोगाची
कर सेवा म्हजे प्रजेची.

## पाशार केली

पुनवे राती
दर्या वेळेरी
शितळ चांदण्यात
नितळ वाऱ्यांत
रेंवेर न्हिदून
पाशार केली
रात सगळी
चाकून सोबाय
चिंतून खोलाय
रचणाराचे पदवेची.

म्हज्या देवा
कितलीं विचित्र
कसलीं सचित्र
तुजीं कामां !

दर्यांत ल्हारां
मळबार तारां
आंब्यार तोरां
घरांत पोरां.

रुकार फळां
मात्येत पाळां
काळीं जांबळां
धवीं जांबां.

दिसाक दिवटी
सुर्याची
रातीक पणती
चंद्राची.

अुसाक गोडसाण
कारातेक कोडसाण
मिठाक खारसाण
मिऱ्याक तिकसाण

वाऱ्यार पिसोळीं
आंगार केसोळी
अुदकांत मासळी
केळीं रसबाळी.

दर्याक गुंडाय
दोंगराक अुंचाय
फुलांक सोबाय
वालीक लांबाय.

मोराचें आंग
किराचो रंग
रानांतलो वाग
बिळांतलो नाग.

कृत्यां तुजीं
चिंतपा वरतीं
वर्णूंक पुरतीं
अुतरां म्हजी
पडतात अुणीं.

१ खोलाय